**<u>प्रयोगसांज कार्यक्रमात शेनवारा “कथा अस्तुरी” नाटकाचो प्रयोग</u>**

ता. 26 डिसेंबर 2019

कला आनी संस्कृती संचालनालयाच्या प्रयोगसांज कार्यक्रमात शेनवार ता. 28 डिसेंबर 2019 दिसा सांजेच्या 6.30 वरांचेर मल्टिपर्पज हॉल, संस्कृती भवन, पाटो-पणजी हांगा “कथा अस्तुरी” ह्या नाट्य कृतीचे सादरीकरण जातले. ही नाट्यकृती महिलांच्या प्रस्नांचेर आधारीत आसून महिलांच्या विंगड विंगड प्रस्नांचेर जागृताय करप हो ह्या नाट्याचो उद्‌देश आसा.

श्री. पुंडलीक नायक हांणी हे नाटक बरयला आनी श्री. श्रीधर कामत बांबोळकर हांणी दिग्दर्शित केला. ह्या नाटकाक संपदा कुंकळ्येकर हांचे संगीत आसा. ज्योती कुंकळ्येंकर आनी प्रशांती तळपणकर हांची ह्या नाटकात भुमिका आसा.

नाट्य क्षेत्रातल्या नव्या पंगडांक आनी उदेंत्या कलाकारांक माची उपलब्ध करून दिवप हो ह्य कार्यक्रमाचो उद्‌देश आसा. ह्या माचयेर नाट्य कलेचे नवे नवे प्रयोग जातात आनी उपरांत तांचेर खोलायेन चर्चा जाता. आयज ह्या कार्यक्रमाक स वर्सां पुर्ण जाता. नाट्य सादरीकरणा खातीर कला आनी संस्कृती संचालनालय आपले मल्टिपर्पज हॉल फुकट दिता. प्रयोगसांज कार्यक्रमात आपली नाट्यकृती सादर करपाक इत्सुक आशिल्ल्या पंगडांनी चड म्हायती खातीर संचालनालया कडेन संपर्क करचो.

हो कार्यक्रम सगळ्यां खातीर उकतो आसून कलाकांर आनी नाट्य मोगीनीं प्रयोगाक हजर रावन नाटकाचो आनंद घेवचो.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2019/878